# कोडिंग सर्त सबमिशनाक मुजत वाड

ता. 19 नोव्हेंबर 2021

शाळांनी कोडिंग आनी रोबोटिक्स शिक्षण ह्या यवजणेखाला पुराय गोंय राज्यातल्या सरकारी आनी सरकारी अनुदानीत शाळांनी 6वी, 7वी आनी 8वीत शिकपी विद्यार्थ्यांखातीर ICT अभ्यासक्रमात सुदारणा केल्या. ह्या अभ्यासक्रमा वरवीं विद्यार्थ्यांमदी संगणकीय कुशळटाय वाडोवपाचो उद्देश आसा.

राज्यभरातल्या विद्यार्थ्यांच्या सर्जनशीलतेची आनी कुशळटायेची तोखणाय करपाखातीर वयल्या येवजणेखाला तंत्रशिक्षण संचालनालयातलो प्रकल्प वेवस्थापन विभाग शिक्षण संचालनालय आनी राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ हांच्या सहकार्यान विंगड विंगड सर्ती आयोजीत करता.

आकार वापरून कोविड केअर ह्या विशयाचेर कोडिंग आधारीत दुसरी सर्त जाहीर केल्या आनी सबमिशन करपाची निमाणी तारीख 20 नोव्हेंबर 2021 आशिल्ली. शिकपाक सुविधा मेळची म्हुण 9 नोव्हेंबर ते 13 नोव्हेंबर 2021 ह्या काळांत खास 5 दिसांचे ऑनलाइन बूट कॅम्प आयोजीत केल्ले. विद्यार्थ्यांक शिकपाची सोय करपाखातीर बूट कॅम्पांतले व्हिडिओ आता http://bit.do/goacamp. चेर ऑनलाइन उपलब्ध आसात.

विद्यार्थ्यांक कोडिंगात मदत करपाखातीर तशेंच राज्यभरातल्या विद्यार्थ्यांची प्रतिभा दाखोवपा खातीर कोडिंग आनी रोबोटिक्स एज्युकेशन इन गोवा (Coding and Robotics Education in Goa ) हे एक समर्पित YouTube चॅनेल तयार केला.

बरो प्रतिसाद आनी सर्तीखातीर तांच्या प्रकल्पांचेर काम करपाक अतिरिक्त वेळ दिवपा बाबतीत शिक्षक, पालक आनी विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या मागणीचो विचार करून सबमिशनाची निमाणी तारीख 27 नोव्हेंबर 2021 मेरेन वाडयल्या. सर्ती विशींची सविस्तर म्हायती www.caresgoa.org ह्या पोर्टलाचेर उपलब्ध आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/978

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji